Panaji regional news 24.8.2025   7.20pm

## बलराम चेरीटेबल

चावडी काणकोणच्या श्री बलराम चेरीटेबल ट्रस्टावतीन चालीक लायील्ल्या श्रमधाम उपक्रमावरवी ३० गरजू मनशांक चवथीपयली स्वतचो हक्काचो निवारो दिवपाची कार्यावळ आयज पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दीनानाथ मंगेशकार सभाघरात जाली.ह्या कार्यावळी दरम्यान 30 गरजु लाबार्थ्यांक श्रमधाम उपक्रमावरवी बांदुन तयार आशील्ली ह्या 30 घरांच्यो चावयो लाभार्थ्यांक दील्यो.श्रमधाम हो उपक्रम गांवचे गांवपण मनीसपणाच्या बळग्यार साकारलेलो संकल्प अशे मंत्री रमेश तवडकार हांणी म्हणला. सुशिक्षित जालो आनी स्वतची उदरगताजाली चाय मनशान आपल्यापुरतेच जगपापरस गरजु घटकांक आधार दीवपाची भावना जिवंत दवरपाची गरज आसा आनी ताचे भान अशे मत ह्यावेळार मंत्री रमेश तवडकार हांणी म्हणला.मनस्थीती बदलल्यार परीस्थीती बदलता ,आनी नेमकी हीच भावना घेंवनजण एकल्यान समाजान जवाबदारीन वागपाची गरज आसा अशे मत ह्या कार्यावळीक मानाचे सोयरे म्हण हाजीर आशील्ले केंद्रीय आदीवासी कल्याण राज्य मंत्री दुर्गादास युके हांणी म्हणला.मनशान सेवा भाव आनी ईश्वरी भावनेतल्यान काम करप गरजेचे अशे तांणी म्हणला.फुडल्या एका वर्साभीतर श्रमधाम उपक्रमावरवी 100 घरा बांधपाची शपथ ह्यावेळार ह्या कार्यक्रमाक हाजीर आशील्ल्या मानेस्तांनी घेतली.ह्यावेळार श्रमधाम भाग 2 ह्या पुस्तकाचे प्रकाशन केले.

ह्यावेळार वास्कोचे आमदार दाजी साळकार, मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट, आदले आमदार दयानंद सोपटे,उत्तर गोंय जिल्हो पंचायत अध्यक्ष धाकु मडकयकार

पैगीण काणकोणची सरपंच सविता तवडकार तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आसले.ट्रस्टावतीन फाटल्या दोन वर्सांसांवन श्रमधाम ह्या उपक्रमावरवी ४० घरा गरजुंक बांदुन दिल्यात. जाल्यार आता तिसऱ्या टप्यात काणकोण, सांगे, सावर्डे, आनी प्रियोळ मतदारसंघातल्या ३० गरजु गोंयकारांक ट्रस्टावतीन हक्काचे घर दिवपाक बलराम चेरीटेबल ट्रस्ट येसस्वी जाला.

## मंत्री खाते

हांवे भाजप फुडारी वा मुख्यमंत्र्यांकडेन मंत्रीपदूच मागूक नासले. जी खाती दिता त्या खात्यांक न्याय दिवपाचो मझो येत्न आसतलो, अशें दोन दिसांपयली मंत्रीपदाची सोपूत घेतिल्ल्या रमेश तवडकार हांणी म्हणला. दिगंबर कामत आनी रमेश तवडकार हांका फाल्या खातीं मेळटली. बरो म्हूर्त आशिल्ल्यान सोमारा खातें वाटप जातलें, अशें प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांणी म्हणला. काणकोणचे आमदार रमेश तवडकार आनी मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांणी बिरेस्तारा मंत्रीपदाचो सोपूत घेतलो. राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी दोगांकूय अधिकार तशेच गोपनीयतेचो सोपूत दिलो. दोगांकूय आजून मेरेन खात्यांचे वांटप जावंक ना.

## फलोत्पादन नाल्ल

फलोत्पादन म्हामंडळ फाल्या आनीक 25 हजार नाल्ल हाडटलें. दोन खेपो हाडिल्ले 50 हजार नाल्ल हातोहात खपील्याची म्हायती म्हामंडळाचे वेवस्थापकी संचालक चंद्रहास देसाय हांणी दिली.राज्यात नाल्लांचे पीक सामके

उणें आयिल्ल्यान नाल्ल बरोच म्हारग जाला. बाजारात 60 ते 100 रूपया अशें नाल्लाचे मोल आसा. हे फांटभुयेर भायल्या राज्यातल्यान नाल्ल हाडून तो लोकांक सवाय दरात उपलब्ध करपाचो उपक्रम फलोत्पादन म्हामंडळान सुरू केला. आता मेरेन दोन खेपो वट्ट 50 हजार नाल्ल आमी कर्नाटकातल्यान हाडलो. हे सगळे नाल्ल खपल्या. फाल्या सोमारा 25 हजार नाल्लांची रास पावपाची आसा. कर्नाटकातल्यानूच ती येतली, अशें वेवस्थापकी संचालक चंद्रहास देसाय हांणी सांगलें.

## ओ -कोकेरो ते मॉल दि गोवा रस्ता बंद

कार्यकारी अभियंता, बांधकाम विभाग -७ (राष्ट्रीय महामार्ग) सार्वजनिक बांधकाम खाते, पणजी आणि पत्रादेवी ते आगसी दरम्यान राष्ट्रीय महामार्ग-६६ , च्या प्रशासकानी २४ ऑगस्ट २०२५ ते ३१ जानेवारी २०२६ पर्यंत विद्यमान राष्ट्रीय महामार्ग-६६ च्या डाव्या बाजूच्या मुख्य कॅरेज व्हेचा पहिल्या टप्प्यातील पी ५५ (ओ कोकेरो जंक्शन) ते पी ७० (मॉल डी गोवा) पर्यंतचा मार्ग सर्व प्रकारच्या वाहतुकीसाठी बंद करण्याचे आदेश दिले आहेत.

## जल्म शताब्दी

मडगाव : मडगावचे सुपूत आनी नामनेचे सिनेमाटोग्राफर के. वैकुंठ हांचे जल्म शताब्दी वर्स चालू त्या निमतान फाल्या मडगाव  हांगा खाशेली कार्यावळ हाडल्या.

गोंयाक अभिमान आनी मान हाडपी सृजनशील व्यक्तीमत्वाक श्रद्धांजली दिवपा खातीर ही कार्यावळ आयोजीत केल्या अशें युवा फुडारी प्रभव नायक हांणी सांगले. मडगावचो आवाज हे संघटने वतीन ही कार्यवळ घडोवन हाडल्या.

ही कार्यावळ मडगाव हांगाच्या एमसीसी सभाघरात जातली. सांजवेळा ४.३० वरांचेर ही कार्यावळ जातली आणि तातूंत नामनेचे कलाकार आणि तंत्रज्ञ वाटेकार जातले अशे कळीत केला.

के. वैकुंठ हांचे मूळ नाव वैकुंठ कुंकळयेकार अशे असून तांचो जल्म मडगाव हांगा जाल्लो. हिंदी सिनेमात एक नामनेचे सिनेमाटोग्राफर म्हणून तांणी आपली सुवात तयार केल्ली.

कश्ट, निश्चय आनी प्रामाणीकपणान गोंयकारांक राष्ट्रीय पांवड्यार नांव जोडूंक मेळटा हें के. वैकुंठ हाणी दाखयलां अशे प्रभव नायक हांणी उजवाडायिल्ल्या खबरेत म्हळा.

**गोंय माध्यमिक**

गोंय माध्यमिक आनी उच्च माध्यमीक शिक्षण मंडळान धावी ते बारावी मेरेनच्या विद्यार्थ्यांक स्पर्धात्मक  परिक्षेची तयारी करपा खातीर फुकट मार्गदर्शन आनी प्रशिक्षण दिवपा खातीर आयआयटी कानपूरान विकसीत केल्ल्या ‘ साथी’ ऑनलायन प्लॅटफॉर्मचो वापर करचो अशें सांगलां.

केंद्र सरकारच्या शिक्षण मंत्रालयान आयआयटी कानपूरच्या सहकार्यान साथी ॲप सुरू केलां, जें धावी ते १२ वी  वर्गांतल्या  विद्यार्थ्यां खातीर बोर्ड आनी स्पर्धात्मक परिक्षेची तयारी करपा खातीर फुकट एआय सक्षम  शिक्षण आनी मार्गदर्शन प्लॅटफॉर्म सुरू केला. साथी ॲप वापरपाक विद्यार्थ्यांक कसलेंच शुल्क भरपची गरज ना.

**आनी खेळांत क्रिकेट:**

श्री सत्य साई युनिटी राष्ट्रीय क्रिकेट सर्तींत गोंयच्या साई कोस्टल फायटर्स पंगडाक जोडली तीन वस्तादपण फावो जाला.सर्तींतलो निमणो खेळ सातत्यान पडिल्ल्या पावसाक लागून रद्द केलो आनी सर्तीच्या नेमाप्रमाण गोंय आनी हरीयाणा पंगडाक सर्तिंतले जोड रीतीन वस्तादपण फावो केलें.हे सर्तींत गोंयच्या

साई कोस्टल फायटर्स पंगडान छत्तीसगड पंगडाचेर ६२ धावंड्यानी जाल्यार तेलंगणा पंगडाचेर ७२ धावंड्यानी जैत जोडलां.गोंयच्या पंगडाच्या जैतांत वील यादव,सनद नेवगी,दीस कसवणकर परजळळे.

## हवामान

: हवामान खात्यान गोंयांत २६ तें २९ आगश्ट मेरेन मध्यम स्वरूपाच्या पावसाची शक्यताय उक्तायल्या.ते प्रमाण फुडल्या चार दिसांखातीर राज्यांत पावसाचो यलो एलर्ट एलर्ट जारी केला.आयज आनी फाल्यां राज्यांत किरकोळ पावस पडपाची शक्यताय आसा.आयज हवामान खात्यान तापमान नोंद केलां ते प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान ३१अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान २४.४ अंश सेल्सियस इतलें आशिल्लें.जालयार मुरगांवांत चडांत चड तापमान ३० अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान २४.६अंश सेल्सियस इतलें नोंद जालां.फुडलया स दिसांत गोंयांतले तापमान चडांत चड २९ तें ३० अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान २४ अंश सेल्सियस मेरेन आसपाची शक्यताय आसा.